राष्ट्रीय खबरो

Date : 24/1/2026 6.30 PM

केंद्र सरकार देशांत आनी विदेशांत तरणाट्यांखातीर रोजगाराची संद निर्माण करपाचो यत्न करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या अठराव्या रोजगार मेळाव्याक ताणी आभासी पावन्द्यार मार्गदर्शन केले.

ह्या रोजगार मेळाव्यांत वेगवेगळया सरकारी खात्यांनी आनी संस्थांनी 61 हजार नव्यान नेमिल्ल्या तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां भेटयली.

यौथ पोवेर २९ सेक हो रोजगार मेळावो देशाल्या 45 सुवातींनी जालो हातूंत नवी दिल्ली, मुंबय, नागपूर, कोलकाता, चेन्नई, हैदराबाद, तिरुवनंतपुरम, भुवनेश्वर शारांचो आस्पाव जाता.

प्रधानमंत्री मोदीहांच्या फुडारपणा खाला केंद्र सरकारान रोजगाराची संद दिवन तरणाट्यांच्या कल्याणा खातीर जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ.एल. मुरुगन हाणी म्हणला. आयज चेन्नयत जाल्ल्या कार्यावळींत ताणी केंद्रीय मंत्रालयांनी आनी खात्यांत नेमिल्ल्या उमेदवारांक नेमणूक पत्रां दिलीं.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां 77व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्व सांजेर देशाक उद्देशून उलोवप करतल्यो . सांजे 7 वरांचेर दूरदर्शनाच्या सगळया चॅनलांचेर आनी आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें . हिंदीं आनी इंग्लीश प्रसारण उपरांत रातच्या 9.30 वरांचेर प्रादेशिक भाशेतल्यान आकाशवाणीच्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर प्रसारीत जातले.

पुराय संवसार अनिश्चीततायेच्या काळातून वता म्हुण देशांतल्या तरणाट्यांनी सदांच तयार रावचें अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हणलां. आयज नवी दिल्लींत प्रजासत्ताक दिसा जावपी परेडात वाटो घेतल्या एनसीसी कॅडेटांक ताणी मार्गदर्शन केले.

एनसीसी फकत परेड, ड्रिल आनी शिबिरां मेरेन मर्यादीत ना जाल्यार तरणाट्यां मदीं आत्मविस्वास, आत्मशिस्त आनी देशभक्ती निर्माण करपी मंच आसा अशें तांणी सांगलें. कॅडेटासाची ही क्षमता २०४७ मेरेन भारताची उदरगत करपाक खूब उपेगी पडटली अशें तांणी मुखर सांगलें.

फाटल्या दशकांत भारतीय कापड उद्देगांत उल्लेखनीय वाड जाल्या आणि हो उद्देग देशांतलो एक व्हड रोजगार निर्माण करपी उद्देग म्हणून उदेला अशे अशें केंद्रीय कापड मंत्री गिरिराज सिंग हाणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 74व्या भारत आंतरराष्ट्रीय कापड मेळाव्यांत ते उलयताले. कितल्याशाच येवजण्यो चालीक लायल्या कारणांन कापड मळावेल्यो जायत्यो आडमेळीं पयस जाल्यांत, आनी निर्गतीत वाड जाला अशें तांणी सांगलें.

आयज राश्ट्रीय चली दीस. समाजांत चलयांचे हक्क आनी सशक्तीकरणा विशीं जागृताय निर्माण करप हो ह्या दिसाचो हेत आसा. चलयां खातीर समान, सुरक्षीत आनी सशक्त वातावरण तयार करपाची समाजाक प्रेरणा दिता, जाका लागून तांकां राष्ट्राच्या उदरगतींत समान योगदान दिवंक मेळटलें. हो दीस पयलेच खेपे 2008 वर्सा बायलां आनी भुरगी उदरगत मंत्रालयाच्या फुडाकारान मनयलो. मजगती चलयो फकत जापसालदारकी न्ह तर राष्ट्र निर्मितींत एक अदम्य शक्त आनी मोलादिक तांक दाखयतात अशें घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज राष्ट्रीय चली दिसा निमतान परबीं दितना म्हणला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

फाल्यां मेरेन पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, आनी दिल्लींत दाट धुकें पडपाची शिटकावणी भारतीय हवामान खात्यान दिल्या.तशेच हिमाचल प्रदेशांत शियांच्या ल्हारांचो अदमास खात्यान उक्तायला .

बायलां प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीत आयज सांज 7:30 वरांचेर रॉयल

चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी दिल्ली कॅपिटल्स पांगडामंदी खेळ जातलो .हो खेळ वडोदरातल्या बीसीए मैदाणार जातलो